# <u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं</u>

ता. 30 ऑक्टोबर 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दिवाळीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी हो भारतातलो एक व्हड सण. भारतीय नागरीक हो सण आपल्या घरांनी दिवें पेटोवन जात-पात वा धर्म भेदभाव करीनासतना व्हडा उमेदीन आनी मौज-मजेन मनयतात. म्हत्वाचे म्हळ्यार हो सण उजवाडान काळखाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. दिवाळीच्या उत्सवाच्या काळात पुराय देशभर दिव्यांचो लखलखीत उजवाड पळोवक मेळटा.

धार्मिक परंपरेनुसार दिवाळी सण उजवाडान काळखाचेर, ज्ञानान अज्ञानाचेर, सद्‌गुणांनी वायटाचेर आनी आशेन निराशेचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दिवाळी सारखो उत्सव आमच्या जीणेत खुप म्हत्वाचो आसा. भारत हो विंगड विंगड धर्म, प्रदेश आनी भाशां आशिल्लो देश. ह्या उत्सवातल्यान लोकांमदी सामाजीक अखंडताय, एकामेकाचेर विस्वास आनी बरेंपण वाडपाक मजत जाता, जेणे करून राष्ट्रीय एकात्मता आनी एकजूट मजबूत जाता.

दिवाळीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/593

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.